# केपे हांगा प्रजासत्ताक दीस मनयलो

ता. 26 जानेवारी 2020

तिळामळ – केपेच्या खेळा प्रकल्पात आयोजीत प्रजाकत्ताक दीस सुवाळ्यात वीजमंत्री श्री. निलेश काब्राल हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो आनी पुलीस पंगड आनी विध्यार्थ्यांच्या संचलनाची पळोवणी केली.

ह्या वेळार उलयताना श्री. काब्राल हांणी आमचे फुडारीं आनी जाणकारांनी समस्त भारतीय समाजाचे हित नदरेमुखार दवरून देशाचे संविधान बरयले आनी हे संविधान देशाची धर्मनिरपेक्षताय, लोकशाय आनी सामाजीक बांदिलकीची राखण करता,अशें सांगून लोकांनी लोकशाय आनी अहिंसक मार्गान आपले मत आनी भुमिका सरकारामुखार मांडपाचो आनी आपल्या राज्याच्या विकासाखातीर सरकाराच्या यत्नांक हातभार लावपाचो उलो मारलो.

प्रजासत्ताक सुवाळ्याक केपेचे नगराध्यक्ष श्री. दयेश नाईक, उपजिल्हाधिकारी श्री. रोहित कदम, पुलीस उपअधिक्षक श्री. किरण पोडवाळ, मामलेदार श्री. रमेश गांवकर, श्री. रूझारियो कार्व्हालो, नागरीक आनी विद्यार्थी हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार शाळांच्या भुरग्यांनी देशभक्ती गीतां आनी सांस्कृतिक कार्यक्रम सादर केलो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/75